गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी गोंय

<u>सरकारी पत्रक</u>

**<u>शौर्य पुरस्कारा खातीर अर्ज</u>**

ता. 23 सप्टेंबर 2019

नवी दिल्लीच्या भारतीय बाल कल्याण मंडळान शौर्य पुरस्कारा खातीर अर्ज मागल्यात. धाडसी कामाखातीर मंडळा वतीन भुरग्यांक शौर्य पुरस्कार दितात. धाडसाचे काम केल्ल्या भुग्यांची दखल घेवप आनी धाडसाचे काम केल्ल्या भुरग्यां कडल्यान हेर भुरग्यांनी प्रेरणा घेवची ह्या उद्देशान हे पुरस्कांर दितात. आपलो जीव धोक्यात घालून दुसऱ्याचो जीव वाटावपा खातीर धाडसाचे काम केल्ल्या भुग्यांची ह्या पुरस्कारा खातीर निवड करतात.

अर्ज आनी चड म्हायती खातीर बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालय, पणजी हांगा संपर्क करचो वा अर्ज www.iccw.co.in वयल्यान मेळोवचो.

2019 वर्साच्या पुरस्कारा खातीर धाडसाची घडणूक घडिल्ल्या दिसा भुरग्याची पिराय 6 वर्सा सकयल आनी 18 वर्सा वयर आसपाक जायना आनी घडणूक 1 जुलय 2018 आनी 30 जुन 2019 मजगती घडिल्ली आसपाक जाय. जर निवड समितीक योग्य दिसले जाल्यार समिती कडल्यान 1 जुलय 2018 पयलीच्या चडांत चड तीन म्हयन्यांच्या काळाखातीर शीथीलताय दिवक शकता.

भारतीय बाल कल्याण मंडळ, दिनदयाळ उपाद्याय मार्ग, नवी दिल्ली- 110002 वा iccw.delhi@gmail.com ह्या नाम्याचेर अर्ज सुपूर्द करपाची निमणी तारीख 15 ऑक्टोबर 2019 आसा. हे पुरस्कार नवी दिल्लीत जावपी खास सुवाळ्यात भेटयतात.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/608

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA